## प्रादेशीक भाशां सल्लागार दुभाश्यांचे पॅनल तयार करपाक अर्ज मागयल्यात

ता. 12 सप्टेंबर 2023

प्रादेशीक भाशां खातीर सल्लागार दुभाश्यांचे पॅनल तयार करपाचो लोकसभा सचिवालयाचो उद्देश आसा. हे संबंदी लोकसभा सचिवालयांत कंत्राटी पद्दतीचेर प्रादेशीक भाशां खातीर सल्लागार दुभाश्यांचे पॅनल तयार करपा खातीर सगळे पात्र अशासकीय भारतीय नागरीक आनी लोकसभा आनी राज्यसभा सचिवालयां, केंद्र/राज्य सरकार, राज्य विधीमंडळ सचिवालयां, स्वायत्त संस्था, केंद्र/राज्य भौशीक क्षेत्रांतली आस्थापनां, सर्वोच्च न्यायालय/उच्च न्यायालयां आनी थळाव्या संस्थांच्या निवृत्त कर्मचाऱ्यां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.

सत्र काळांत सल्लागार दुभाश्यांच्या पॅनलाक पुर्ण वेळ तत्वांचेर आनी आंतर-सत्राच्या काळांत अर्दवेळ तत्वांचेर आवश्यकताये प्रमाण सेवा दिवची पडटली. पुर्ण वेळ सल्लागार दुभाश्यांक नेमणूकेच्या काळांत हेर खंयचेंय काम घेवपाची परवानगी दिवचे नात, पूण अर्दवेळ नेमणूक सल्लागार दुभाश्यांक सचिवालयाक पूर्व सुचोवणी दिवन हेर कामां घेवपाक मेळटली. अधिवेशनाचो काळ सत्र आपयिल्ल्या तारखे सावन ते सत्र सोपमेरेनच्या तारखे मेरेन आसतलो.

पात्र आनी इत्सुक उमेदवारांनी थेट भरती फांटो, लोकसभा सचिवालय हांचे कडेन अर्ज करूंक शकता. चड तपशिलाखातीर जशी, पात्रतायेची अट, निवड प्रक्रिया, भत्तो आनी हेर खातीर जायरात क्र. 1/2023 पळोवची, जी www.loksabha.nic.in ह्या संकेतथळाचेर उपलब्ध आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/714

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.